**Panaji Regional**

**16 April 2026** **7.20PM**

1) सगळ्यांनी हेर भासो शिकपाक जाय, पूण आवयभास विसरूंक फावना अशें राष्ट्रपति द्रौपदी मुर्मू हांणी आयज सांगलें.
2) देशाच्या उदरगतींत बायलांचो म्हत्वाचो वांटो आसा आनी धोरण तयार करपाक तांकां फावो तें प्रतिनिधित्व दिवप ही काळाची गरज आसा अशें प्रधानमंत्री मोदी हाणी म्हटलां.
3) गोंय हस्तकला, ग्रामीण आनी लघु उद्देग उदरगत म्हामंडळान राज्यांतल्या पारंपरिक कारागिरांक सक्षम करप आनी तांची उपजीविका सुदारपाच्या उद्देशान आवश्यक हत्यारां आनी सामुग्री आशिल्ल्या किटाचे वाटप केले.
4) अपंगत्व आशिल्ल्या व्यक्तींच्या सशक्तीकरण खात्यान 21 मार्च 2026 सावन अपंगत्व आशिल्ल्या व्यक्तींचो दारांतल्यान दारांत सर्वेक्षण सुरू केला.
5) चले आनी चलयां खातीर 17 वर्सां सकयल्या बीच व्हॉलीबॉल सर्त 21 ते 23 एप्रील 2026 मेरेन मिरामार बीचाचेर जातली.

सगळ्यांनी हेर भासो शिकपाक जाय, पूण आवयभास विसरूंक फावना अशें राष्ट्रपति द्रौपदी मुर्मू हांणी आयज सांगलें. दरेकल्यान आपली भास सदांच मुखार दवरची. राष्ट्रपति मुर्मू आयज महाराष्ट्रांतल्या वर्धा हांगा जाल्ल्या महात्मा गांधी आंतरराष्ट्रीय हिंदी विद्यापिठाच्या 6व्या दीक्षांतकारांत उलयताल्यो. राष्ट्र निर्मितींत भारतीय भाशांचें म्हत्व सांगून ताणी सांगलें की आमी एक घटमूट, आत्मनिर्भर आनी विकसीत भारत तयार करपाक जाय आनी हें फकत भारतीय भासांच्या घटमूट बुन्यादीचेर शक्य आसा. 'राष्ट्रीय शिक्षण धोरण' सयत जायत्या उपक्रमांच्या मदतीन आमचो देश योग्य दिशेन वता अशें ताणी सांगलें.

देशांतल्या 50 टक्के लोकांनी निर्णय घेवपाचे प्रक्रियेंत वांटो घेवपाची गरज आसा हाचेर प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी भर दिला. देशाच्या उदरगतींत बायलांचो म्हत्वाचो वांटो आसा आनी धोरण तयार करपाक तांकां फावो तें प्रतिनिधित्व दिवप ही काळाची गरज आसा अशें तांणी सांगलें. नारी शक्ती वंदना कायद्यांतल्या घटनात्मक दुरुस्ती संबंदीत तीन म्हत्वाच्या विधेयकांचेर चर्चा करतना मोदी हांणी आयज लोकसभेंत हें मत मांडलें.

ह्या इतिहासीक कायद्याक राजकी रंग दिवचो न्हय, कारण ह्या कायद्याक लागून देशाच्या लोकशायेक फायदो जातलो अशें आवाहन प्रधानमंत्र्यांनी विरोधी पक्षांक केलें. आतां ह्या कायद्याक विरोध करपी लोकांक फुडाराक ताच्या परिणामांक तोंड दिवचें पडटलें अशें तांणी सांगलें. देशाची दिका आनी फुडार घडोवपाक हो कायदो म्हत्वाचो वांटो घेतलो अशें प्रधानमंत्री मोदी हांणी सांगलां.

गोंय हस्तकला, ग्रामीण आनी लघु उद्देग उदरगत म्हामंडळान राज्यांतल्या पारंपरिक कारागिरांक सक्षम करप आनी तांची उपजीविका सुदारपाच्या उद्देशान सुरू केल्ल्या एका विशेश कल्याणकारी उपक्रमा खाला चामड्याच्यो वस्तूं तयार करपी गरजू कारागिरांक आवश्यक हत्यारां आनी सामुग्री आशिल्ल्या किटाचे वाटप केले. म्हामंडळाचे अध्यक्ष श्री. प्रवीण आर्लेकर हांणी लाभार्थ्यांक गरजेची साधनां आनी उपकरणां आशिल्ली किट वितरित केली.

ह्या वेळार उलयतना श्री. प्रवीण आर्लेकर हांणी अशा कल्याणकारी उपक्रमांच्या अंमलबजावणी खातीर सदाच सहकार्य केल्ले खातीर राज्य सरकारचे आनी विशेश करून मुख्यमंत्र्यांचे उपकार मानले. समाजातल्या गरीब आनी गरजू घटकांक मजत करपा खातीर आपली सदाच तयारी आसता आनी चामड्याच्यो वस्तूं तयार करपी गरजू कारागिरांक हत्यारां आनी सामुग्रीच्या किटाचे केल्ले वाटप हे तांच्या अर्थिक सक्षमीकरणाच्या दिकेन मारिल्ले एक पावल आसा, अशें सांगलें.

फुडें उलयतना श्री. प्रवीण आर्लेकर हांणी आंबेडकर भवनाची पायाभरणी केल्ले खातीर मुख्यमंत्र्यांचे आभार व्यक्त केले आनी हे भवन पुर्ण जाल्या उपरांत समाजातल्या लोकांक ताचो बरो फायदो जातलो, अशें सांगलें.

संत हरलय्या समाजाचे सचीव श्री कार्तिक लोकापुरे, म्हामंडळाच्या संचालक मंडळाचे वांगडी श्री सतीश कोरगांवकर हांणीय चर्मकार कारागिरांक दर्जेदार साधनांचे वाटप केल्ले खातीर म्हामंडळाच्या अध्यक्षांचे उपकार मानून ह्या साधनांक लागून कारागिरांचे उत्पादन वाडपाक आनी काम अदीक सोपे जावपाक मजत जातली, अशें सांगलें.

अपंगत्व आशिल्ल्या व्यक्तींच्या सशक्तीकरण खात्यान 21 मार्च 2026 सावन अपंगत्व आशिल्ल्या व्यक्तींचो दारांतल्यान दारांत सर्वेक्षण सुरू केला.अपंगत्व आशिल्ल्या व्यक्तींची वळख करप, तांच्या गरजेचें मुल्यांकन करप, आनी तांकां वेगवेगळीं सरकारी येवजण्यो आनी सेवा दिवप ह्या हेतान सांगे आनी दिचोली तालुक्यांनी पायलट तत्वाचेर हें सर्वेक्षण सुरू केलां.

अपंगत्व आशिल्ल्यां विशीं म्हायती एकठांय करपाक आनी तांकां वेगवेगळ्या येवजण्यो आनी सेवांचो फायदो मेळोवपाक हो सर्वेक्षण मदत करतलो. समाज कल्याण संचालनालयाचे अधिकारी दारांतल्यान दारांत वचून अपंगत्व आशिल्ल्यांचें सर्वेक्षण करतले. अधिकाऱ्यांक पुराय सहकार दिवन अचूक म्हायती दिवची अशी विनंती सामान्य लोकांनी केल्या. सरकारान चालीक लायिल्ल्या वेगवेगळ्या येवजण्यांचो फायदो घेवपा खातीर तांणी अपंगत्व आशिल्ल्यां विशीं म्हायती दिवन येवजण्यो चालीक लावपाक सरकाराक सहकार्य करचें. सर्वेक्षणाचे फुडले टप्पे वेळार हेर तालुक्यांनी चालीक लायतले. कसल्याय प्रस्ना खातीर वा मजती खातीर नागरिकांनी गोंय सरकाराच्या अपंगत्व आशिल्ल्या व्यक्तींच्या सशक्तीकरण खात्या कडेन संपर्क सादचो.

चले आनी चलयां खातीर 17 वर्सां सकयल्या बीच व्हॉलीबॉल सर्त 21 ते 23 एप्रील 2026 मेरेन मिरामार बीचाचेर जातली. भारतीय शाळा खेळां महासंघान आयोजीत केल्ल्या आनी खेळां आनी तरणाटे वेव्हार संचालनालयान गोंयच्या आयोजीत केल्ल्या ह्या कार्यावळींत 20 राज्यांतल्या 100 खेळगड्यांक वांटो मेळटलो. सकाळीं आनी सांजवेळाच्या सत्रांत तीन दिसांनी मॅची जातली अशी म्हायती खेळामंत्री रमेश तवडकार हांणी दील्या.पणजे घेतील्ल्या पत्रकार परीशदेत ती उलयताली.

खेळां संघटनांनी बीच व्हॉलीबॉलाक चालना दिवपा खातीर फुडाकार घेवचो अशें खेळां मंत्री रमेश तवडकार हांणी ह्यावेळार म्हणला.राज्यांत खेळाची उदरगत करपा खातीर गोंय सरकाराचो पुराय आदार अशा खेळा संघटनांच मेळटलो अशे मंत्र्यान म्हळा.

कुर्टी फोंडेच्या अजिंक्य चेस अकादमीन घडोवन हाडिल्ल्या बुध्दबळ सर्तींत सियान सिध्देश केरकार हाणे  वस्तादपपण जोडलें. फोंडें तालुको बुध्दिबळ संघठणेच्या पालवान घडोवन हाडिल्ल्या हें सर्तींत केळबाय,कुर्टी,पिसगाळ, आनी राय वाठारांतल्यान सुमार 30 विध्यार्थी सर्तक वांटेकार जाल्ले. वस्ताद सियान केरकारान पांच फैरयेंतल्यान 5 गुण मेळोवन ही सर्त जिखली. सर्तींत जतीन गावडे हाका दुसरी सुवात,आरूष गावडे हाका तिसरी, वेदांत पिरवळकार हाका चवथी आनी रेयांश कुर्टीकार हाका पांचवी सुवात  फावो जाली.खेरीज,दिग्विजय गावडे, तंश गावडे आनी पाविया नायक हांकांय खाशेली इनामा भेटयली. फोंडें तालुको बुध्दिबळ संघठणेचे अध्यक्ष  सागर साकोड्डेकार हांचे हस्तुकीं जैतीवंतांक इनामां भेटयली. है वेळार संदेश नायक, पुलीस उप निरीक्षक सुशांत सांगोडकार आदी मानेस्त हाजीर आशिल्ले. आनंद कुट्टीकार हाणी कार्यावळीचें सुत्रसंचालन केलें.

पेडणे स्पोर्टस एण्ड कल्चरल क्लबाचेवतीन 19 वरसां पिराये खालच्या चल्यां खातीर लेदर बोल क्रिकेट सर्त आयोजीत केल्या. हि सर्त 25 एप्रील सावन न ईबाग सतियादेवी खेळा मैदानाचेर खेळयतले.जैतीवंतांक रोख इनामां भेटयतले. 1सप्टेंबर 2007 आनी  आनी ते उपरांत जल्मल्ले खेळगडी सर्तींत वांटेकार जावंक शकतात. 14,16,आनी 19 वरसां पिरायेंत खालच्या सर्तींत गोंय पंगडाचें प्रतिनिधीत्व केल्ल्या खेळगड्यांक सर्तींत वांटो घेवंक मेळचोना अशें जालवणदारां कळीत  केलां .

आकाशवाणी पणजी ‘कॅज्युअल असाइनीज’, न्यूज रीडर-कम-ट्रान्सलेटर  ह्या वर्गवारीत तात्पुरत्या कराराचेर एम्पॅनलमेंट खातीर पात्र उमेदवारांकडल्यान अर्ज मागयला.

पात्रताय आनी अटी:

शिक्षण: उमेदवार पदवीधर आसप गरजेचें.

पीराय 21 ते 50 वर्सां मजगतीं आसची.

कोंकणी भाशेचें बरें गिन्यान आसचें  तशेंच इंग्लीश-कोंकणी आनी कोंकणी-इंग्लीश अणकार करपाचें कसब आसचें.

प्रसारणाखातीर आवाज योग्य आसपाक जाय.

इत्सूक उमेदवारांनी थारायल्ली फी भरची आनी ताची पावती जोडून आपलो अर्ज 'हेड ऑफ आरएनयू, आकाशवाणी पणजी, आल्तिन्हो, पणजी , गोवा - 403001 हांगा सादर करचो.

निवड प्रक्रिया लेखी परीक्षा आनी मुलाखत अशा दोन पांवड्यार जातली.

अर्ज  करपाक निमणी तारीख आसा 17 मे 2026.

अधिक म्हायती खातीर 7020672710 ह्या क्रमांकाचेर वा rnuairpanaji[at]gmail[dot]com ह्या ई-मेलाचेर संपर्क करचो.

हवामान खात्यान आयज नोंद केलां ते प्रमाण पणजेंत चडांत चड तापमान 34.2 अंश सेल्सिअस तापमान जाल्यार उण्यांत उणे तापमान 25.5 अंश सेल्सिअस असल्याची नोंद जाल्या. मुरगांवांत चडांत चड 35अंश सेल्सिअस जाल्यार उण्यांत उणे तापमान 26 अंश सेल्सिअस असल्याची नोंद जाल्या.

फुडल्या स दिसांत गोंयांतलें चडांत चड तापमान 34 ते 35 अंश सेल्सिअस मेरेन जाल्यार उण्यांत उणे तापमान 24 ते 25 अंश  सेल्सिअस मेरेन उरपाची शक्यताय आसा. तापमान सरासरीपरस चड वाडपाची शक्यताय आशिल्ल्यान लोकांनी जतनाय घेवची, वतांत चड भायर सरचें न्हय, सुती कपडे वापरचे, वता सावन तकलेचें संरक्षण करचें असो सल्लो हवामान खात्यान दिला.